Panaji Regional 14th July 2025 7.25am

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद - 170

आयआयटीन देशाचे उदरगतींत म्हत्वाचें योगदान दिलां आनी अभियंते हे आधुनीक भारताचे शिल्पकार आसात अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी काल म्हळें. इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी, गोंय हांणी काल आयतारा फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत सवो दीक्षांत सुवाळो आयोजीत केल्लो.ह्या कार्यावळींत गोंयचो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत खास निमंत्रित म्हूण हाजिर अशिलले. मुखार उलयतना तांणी सांगलें, भारत 2047 मेरेन विकसीत देश जातलो आनी 2037 मेरेन गोंय विकसीत गोंय जावपाचे वाटेर आसा.गोंय सरकार अंत्योदय तत्वाचेर काम करता आनी आयआयटी गोंय सध्या फार्मागुडेतल्या गोवा अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या परिसरांतल्यान तात्पुरतो वावुरता. पूण गोंय सरकार आयआयटी गोंय खातीर वेगळो कॅम्पसा खातीर सुवात दिवपाचो यत्न करता अशेंय तांणी मुखार सांगलें.

स्टार्टअपांतल्यान नोकरी घेवचे परस नोकरी दिवपी जावचें अशें तांणी आयआयटी अभियंत्यांक आवाहन केलें. तशेंच आयआयटी गोंयांतल्यान पदवी मेळयल्ल्या दरेका विद्यार्थ्याक गोंय राज्याचे उदरगती खातीर यत्न करचे आनी पयलीं देश हे भावनेन वावुरचें आनी भारताचे उदरगती खातीर यत्न करचे अशें आवाहन तांणी केलें. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हे कार्यावळीक व्हर्च्युअल माध्यमातल्यान मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले.या कार्यक्रमात बी.टेक, एम.टेक आणि पीएच.डी. अभ्यासक्रम पूर्ण केलेल्या 174 पदवीधर विद्यार्थ्यांक पदवी भेटयल्यो.

Ganesh – 125

दायज धोरणान जीं घरां दायज घरां म्हूण अधीसुचीत जाल्यात तांची जतनाय करपा खातीर धनयांक अर्थीक मजत दिवपाची तजवीज करपी येवजण रोखडीच तयार जातली. पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी ही म्हायती दिली. तज्ञांच्या सल्ल्यान सरकारान दायज धोरण तयार केलां. गोंयचीं दायज थळां, दायज घरां, परंपरीक वेवसाय हांची सुची जाहीर केल्या. ह्या धोरणाचो पर्यटना खातीर लेगीत लाव जातलो. हें धोरण चालीक लावपा खातीर सरकार तरेकवार येवजण्यो

तयार करतलें. जे कायदें आसात, तां ंचो अभ्यास करतलें. धोरण चालीक लावपाक कायदे पुरक नाशिल्ले जाल्यार कायद्यांत दुरुस्त्यो जातल्यो. धोरणांत 122 दायज घरां ं जाहीर केल्यांत. ह्या घरांची दुरुस्ती तशेंच नुतनीकरणा खातीर येवजण तयार जातली. नुतनीकरणाचो कांय वांटो सरकार घेतलें जाल्यार कांय वांटो धनयाक घेवचो पडटलो. येवजणेचो मसुदो पयली तयार जातलो. सुचोवण्यो घेतले उपरां ंत येवजण निश्चीत जातली, अशी म्हायती मं ंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी दिली.

Ro Ro ferry – 60

रायबंदर-चोडण मार्गार रो- रो फेरीचे आज उक्तावण जावन ती प्रवाशां खातीर उक्ती जातली. एके फेरीबोटींत 15 मोटारी, 40 स्कुटरी आनी 100 प्रवाशयांक घेवन वचपाची तांक आसा. प्रवाश्यांक 12 मिण्टां परस चड वेळ वाट पळोवची पडची ना अशें न्हंय येरादारी मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें.

ह्या मार्गार दोन रो- रो फेरी चलतल्यो. रायबंदर- चोडण मार्गार द्वारका आनी गंगोत्री ह्यो दोन रो- रो फेरी धांवतल्यो.

नुस्तेमारी हंगामाची सुरवात - 65

बाणावले वाठारांतल्या पारंपारीक नुस्तेकारांनी शेनवारा दर्याची आनी बोटींची पुजा केलें उपरांत काल आयतारा दर्यांत बोटी सोडून,रापण उडोवन नव्या नुस्तेमारी हंगामाची सुरवात केली.

काल कोलवा दर्यावेळेचेर थळाव्या रांपणकारांक व्हड प्रमाणांत नुस्तें मेळ्ळें. काल सुरु केल्ल्या पयल्याच दिसा रांपणकारांक वेगवेगळ्या तरांचे नुस्तें व्हड प्रमाणांत मेळ्ळें.ताका लागून नुस्तेकारांनी खोंस परगटायली.

बाणावले दर्यादेगेर नुस्तेकारांनी दिल्ल्या म्हायती प्रमाण एक ऑगस्टक नुस्तेमारी बंदी काडल्या उपरांत हवामानाचो अदमास घेवनूच बोटी खोल दर्यांत सोडतले.

पावस - 70

सध्या गोंयांत पावसाचो नेट उणो जाला. पुण अदीं मदीं वत आनी पावस पडपाची नोंद सुरू आसा. गोंयांत १ जुन ते ११ जुलय ह्या काळांत सरासरी ५०.९३ इंच पावसाची नोंद जाल्या.संबंदीत काळांत राज्यांतल्या १४ केंद्रांतल्यान स केंद्रानी सरासरी ५० इंच पावस पुराय केला.आतांमेरेन सगळ्यांत चड ७५.९०इंच पावस

धारबांदोड्या वाठारांत नोंद जाला. फुडल्या पांच दिसांत राज्यांत चडांत चड तापमान ३१अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.